TRANSLATED COPY

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)

**[2023] 2 एस. सी. आर. 1112**

**कुमारी एक्स**

**विरुद्ध**

**महाराष्ट्र राज्य आनी आनीक एक**

**(2023 चो फौजदारी अपील क्रमांक 822-823)**

**17 मार्च 2023**

**[न्या. ए. एस. बोपण्णा आनी न्या. हिमा कोहली]**

*फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 - उपकलम 437, 438 आनी 439 – दंड संहिता,1860 – उपकलम 354,354 – ब, 376, आनी 506 – अटकपूर्व जामीन - रद्द – करप – अपीलकर्ता - फिर्यादीन तिका मॉडेलिंगाचें काम दिवपाच्या आमिशान ज्या हॉटेलाच्या रुमांत ती रावताली थंय बलात्कार केला म्हणून प्रतिवादी क्रमांक 2 – आरोपी विरुद्ध दाखल केल्ली तक्रार – सुरवेक भारतीय दंड संहितेच्या उपकलम 354,354-बी आनी 506 खाला एफ. आय. आर. नोंद केलो आनी उपरांत पुरवणी जबानीची नोंद केली, कलम 376 खाला गुन्यांव एफ. आय. आर. त जोडलो – उच्च न्यायालयान अपीलकर्ता बायलेन तिचे जबानींत सुदारणां केलीं म्हणून प्रतिवादी क्रमांक 2 क अटकपूर्व जामीन मंजूर केलो – अपीलान अशे अभिनिर्धारीत केलें की : कथीत गुन्यांव आनी ताचें स्वरूप आनी गंभीरताय, अपीलकर्प्याचे तुळेंत आरोपीची आर्थिक उंचाय, पद, आनि भूमिका हे बाबतींकडे कडेन उच्च न्यायालयान दुर्लक्ष केलें. प्रथमदर्शी भा. दं. सं. च्या कलम 376 चे तरतुदी कडेन लक्ष ओडपी फावो तशी सामुग्री एफ. आय. आर. त (प्रथम माहिती अहवाल) आशिल्ली – अपीलकर्प्यान हस्तक्षेपा खातीर अर्ज दाखल केल्लो आसलो तरी प्रतिवादी क्रमांक 2 न दाखल केल्ल्या अटकपूर्व जामिनाचे याचिकेंत उच्च न्यायालया मुखार तिका सुनावणी दिवंक ना – स्वता अपिलकर्प्या शिवाय दुसरो कोणूच साक्षिदार नासलो, उच्च न्यायालयान सुनावणेची संद तिकादिवपाक जाय आशिल्ली – मंजूर केल्लो अटकपूर्व जामीन तिगपा सारको नाशिल्लो – उच्च न्यायालयाचो आदेश रद्दबातल थारायलो आनी कुशीक दवरलो.*

**अपील निकालांत काडटाना,ते न्यायालयीन:**

अभिनिर्धारणः 1. कथीत गुन्यांवाचें स्वरूप आनी गंभीरताय हाचेर दुर्लक्ष केलें. तशेंच आरोपीची आर्थीक उंचाय, स्थिती हाचे तुळेंत अपीलकर्ता / फिर्यादी हांचे भुमिके कडेन दुर्लक्ष केलें. उच्च न्यायालयान प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीचे बाजून तीन परिच्छेदांच्या संक्षिप्त आदेशा वरवीं अटकपूर्व जामीन मंजूर केलो 'फिर्यादीच्या कथनांतल्या स्टार व्हेरीएशन्स'(मुखेल तफावतीनी) प्रभावीत जावंन  मुळांत एफ. आय. आर. त जें नोंद केल्लें, तें भा. दं. सं. च्या कलम 375 त परिभाशीत केल्ल्या प्रमाणें बलात्काराचो गुन्यांव जायना अशे थारावप , ही चुकीची कल्पना आसा. जरी 6 ऑगस्ट 2022 दिसा सांजेच्या वेळार पयले पुरवणी जबानीची नोंद केल्ली आसली तरी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी विरुद्ध एफ. आय. आर. दाखल केल्ले तारखेची नोंद अपीलकर्ता / फिर्यादीन त्याच दिसा पुर्वार्धांत केली, 6 सप्टेंबर 2022 दिसा नोंद केल्ली तिची दुसरी पुरवणी जबानी आनी 8 ऑगस्ट 2022 दिसा अपीलकर्ता / फिर्यादीची तपासणी करपी दोतोरांचो मॅडिको – न्यायवैजकी अहवाल एका खिणाक बाजूक दवरलो तरी, एफ. आय. आर. तली सामुग्री प्रथमदर्शनी भा. दं. सं. च्या कलम 376 च्या तरतुदी कडेन लक्ष ओडून घेवपाक फावोशी आसा, अशें ह्या न्यायालयाक दिसून येता. ह्या न्यायालयाच्या मतान, ह्या घटकांनी उच्च न्यायालयाक प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीच्या बाजून विवेकबुद्धीचो वापर करून अटकपूर्व जामीन मंजूर करपा पासून थांबोवंक जाय आसलें. [परिच्छेद 22] [1131 – ई – जी; 1132 – ए-बी]

2. ह्या आक्षेपीत आदेशांत हस्तक्षेप करपाचें दुसरें कारण म्हणल्यार ह्या न्यायालयाक दिसता, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीन उच्च न्यायालयांत अटकपूर्व जामिना खातीर दाखल केल्ले याचिकेचेर अपीलकर्ता / फिर्यादीन हस्तक्षेपा खातीर अर्ज दाखल केल्लो आसलो तरी तिका सुनावणेची संद दिवंक ना. किमान दुसरो आक्षेपीत आदेश पळयल्यार तरी तशी स्थिती दिसना. राज्य उपस्थीत आशिल्लें आनी वयर उल्लेखीत कार्यवाहींत ताणें प्रतिनिधित्व केल्लें हें खरें, पूण फिर्यादीचो अधिकार फकत ह्याच कारणा खातीर कमी करपाची गरज नाशिल्ली. अशा प्रकारच्या गुन्यांवांत जंय सामान्यपणान फिर्यादी शिवाय दुसरो साक्षिदार नासता, अशे परिस्थितींत उच्च न्यायालयान अपीलकर्ताक खास करून काळजीपूर्वक आयकून घेवप बंधनकारक आसता आनी असो दृश्टीकोण म्हणल्यार आरोपीन दाखल केल्ल्या अटकपूर्व जामिनाच्या अर्जाक विरोध करपाच्या अधिकारा सयत फौजदारी कारवायेंत वांटेकार जावपाचो फिर्यादीचो अधिकार अमान्य करपा सारकें आसा. प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीचे बाजून मंजूर केल्ल्या अटकपूर्व जामिनाच्या पयल्या आदेशाक दुसऱ्या आक्षेपीत आदेशान पुश्टी मेळ्ळी तेन्ना अर्थपूर्ण सुनावणी न्हयकारली हो एक अतिरिक्त घटक आसा, जाका लागून ह्या न्यायालयाक संबंदीत आक्षेपीत आदेशांत हस्तक्षेप करूंक प्रवृत्त केलें [परि. 23,25] [1132 –बी-डी; 1133-एफ-जी].

*सुशीला अग्रवाल आनी हेर वि. राज्य (दिल्ली एन.सी.टी.) आनी आनीक एक (2020) 5 एस. सी. सी. 1: [2020] 2 एस. सी. आर . 1- हांकां अनुसरून.*

*प्रसांता कुमार सरकार विरुद्ध आशिष चॅटर्जी आनी आनीक एक* **(2010) 14 एस. सी. सी. 496: [2010 ] 12 एस. सी. आर. 1165;** मसरूर वि. उत्तर प्रदेश राज्य आनी आनीक एक (2009)14 **एस. सी. सी. 286: [2009] 6 एस. सी. आर. 1030;** *कल्याण चंद्र सरकार वि. राजेश रंजन उर्फ पप्पू यादव आनी आनीक एक* **(2004)7 एस. सी. सी. 528;** *मायकला धर्मराजम आनी हेर वि. तेलंगणा राज्य आनी आनीक एक* **(2020) 2 एस. सी. सी 743;** *प्रदीप राम वि. झारखण्ड राज्य आनी आनीक एक* **(2019) 17 एस. सी. सी. 326: [ 2019] 8 एस.सी.आर. 824 – हाचेर निंबून आशिल्ली.**

*उत्तर प्रदेश राज्य सी.बी. आय. मार्फत विरुद्ध अमरमणी त्रिपाठी* **(2005) 8 एस.सी.सी 21: [2005] 3 सप्ली. एस. सी. आर. 454;** *प्रल्हाद सिंह भट विरुद्ध एन. सी. टी. दिल्ली आनी आनीक एक* **(2001) 4 एस.सी.सी 280: [2001] 2 एस.सी.आर. 684;** *राम गोविंद उपाध्याय वि. सुदर्शन सिंग आनी हेर* **(2009)14 एस. सी. सी. 286: [2009]6 एस. सी. आर. 1030;** *महाराष्ट्र राज्य वि. रितेश* **(2001)4 एस. सी. सी. 224: [2001] 2 एस. सी. आर. 438;** *पंचानन मिश्रा वि. दिगंबर मिश्रा आनी हेर* **(2005)3 एस.सी.सी 143: [2005]1 एस. सी. आर. 484;** *विजय कुमार वि. नरेंद्र आनी हेर* **(2002)9 एस. सी. सी. 364;** *अन्वरी बेगम वि. शेर मोहम्मद आनी आनीक एक* **(2005)7 एस. सी. सी. 326: [2005]3 सप्ली. एस. सी. आर. 287;** *निरू यादव वि. उत्तर प्रदेश राज्य आनी आनीक एक* **(2014)16 एस. सी. सी. 508: [2014]12 एस. सी. आर. 453;** *अनिल कुमार यादव वि. राज्य (एन. सी. टी. दिल्ली) आनी आनीक एक* **(2018)12 एस. सी. सी. 129: [2017] 11 एस. सी. आर.195;** *महिपाल वि. राजेश कुमार उर्फ पोलिया आनी आनीक एक* **(2020) 2 एस. सी. सी. 118:[2019]14 एस. सी. आर. 529;** *सुप्रीम भिवंडी वाडा मनोर इन्फास्ट्रक्चर प्रायव्हेट लिमिटेड वि. महाराष्ट्र राज्य आनी आनीक एक* **(2021) 8 एस. सी. सी. 753;** *जगजीत सिंग आनी हेर वि. आशिष मिश्रा उर्फ मोनू आनी आनीक एक* **(2022)9 एस. सी. सी. 321 – संदर्भीत.**

**<u>निर्णय विधी संदर्भ</u>**

| | | |
|---|---|---|
| **[2010] 12 एस. सी. आर. 1165** | **परि. 8 हाचेर अवलंबून** | |
| **[2009] 6 एस. सी. आर. 1030** | **परि. 13 हाचेर अवलंबून** | |
| **[2005] 3 पुरवणी एस. सी. आर. 454** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 12** |
| **[2001] 2 एस. सी. आर. 684** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 12** |
| **[2009] 6 एस.सी. आर. 1030** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 12** |

| | | |
|---|---|---|
| **[2001] 2 एस. सी. आर. 438** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 12** |
| **[2005] 1एस. सी. आर. 484** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 13** |
| **[2005] 3 पुरवणी एस. सी. आर. 287** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 13** |
| **[ 2014] 12 एस. सी. आर. 453** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 13** |
| **[ 2017] 11 एस. सी. आर. 195** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 13** |
| **[2019] 14 एस. सी. आर. 529** | **हांगा संदर्भीत** | **परि. 13** |
| **[2020] 2 एस. सी. आर.1** | **अनुकरण केलां** | **परि. 15** |
| **[ 2019] 8 एस. सी. आर. 824** | **चेर अवलंबून** | **परि.19** |

**फौजदारी अपिला संबंदीत अधिकारक्षेत्रः** 2023 चे फौजदारी अपील क्रमांक 822-823

मुंबई उच्च न्यायालयाच्या ए. बी. ए. क्रमांक 2594/2022 तल्या तारीख 21/9/2022 आनी 7/10/22 च्या न्यायनिवाडो आनी आदेशा वयल्यान.

आर. बसंत, वरिश्ठ वकील, सुबोध के. आर. पाठक, अभिजीत चॅटर्जी, शाहसी रंजन, पवन कुमार शर्मा, गौतम बरुआ, आकाश स्वामी, रवी पी. वाधवानी हे अपीलकर्ताचे वकील.

संजय के. हेडगे, वरिश्ठ वकील, धर्मेंद्र कुमार सिन्हा, अखिलेश सिंग, नीतू सिंह, अरुण अधलाखा, नितीन लोणकर, सिद्धार्थ धर्माधिकारी, आदित्य अनिरुद्ध पांडे, भरत बागला, अमित सिंह, लोकेश दत्त शर्मा, हे प्रतिवादी खातीर वकील.

न्यायालयाचो न्यायनिवाडो **न्या. हिमा कोहली** हांणी दिलो

1. अनुमती दिली.

2. कुविख्यात कास्टींग कावच सिंड्रोमाचे भिरांकुळतेक प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीच्या हातांतल्यान बळी पडिल्ल्याचो हांगा दावो करपी अपीलकर्ता / फिर्यादी, मुंबई उच्च न्यायालयान आपल्या फौजदारी अपिलीय अधिकारक्षेत्राचो वापर करून 21 सप्टेंबर 2022[1] आनी 07 ऑक्टोबर 2022[2] दिसा पारीत केल्ल्या आदेशांक लागून असमाधानी आसा, कारण अपीलकर्तान एम. आय. डी.सी. पुलीस स्टेशन, मुंबई हांगासर दिल्ल्या एफ. आय. आर.[4] तक्रारी संदर्भांतलो प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीन दाखल केल्लो अटकपूर्व जामीन अर्ज[3] मंजूर केल्लो. सुरवेक, कलम 354, 354-बी आनी 506, भारतीय दंड संहिता[5] खाला एफ. आय. आर. दाखल केल्लो. ताचे उपरांत अपीलकर्ता / फिर्यादी हांच्या पुरवणी जबाबाची नोंद केल्या उपरांत एफ. आय. आर. त कलम 376 खाला गुन्यांव जोडलो. पयल्या आदेशा वरवीं उच्च न्यायालयान कांय अटींचे अधीन रावन तात्पुरतो उपाय म्हणून

प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक अटकपूर्व जामीन मंजूर केलो आनी 7 ऑक्टोबर 2022 दिसा ह्या आदेशाचेर शिक्कामोर्तब करून तो कायम केलो.

**<u>हे केशींतलीं तथ्यां</u>**

3. सध्याच्या अपिलांचेर निर्णय घेवंक संबंदीत केशींतलीं तथ्यां थोडे भितर नमूद केल्यांतः-

3.1 अपीलकर्ता / फिर्यादी वेवसायान मॉडेल आसा. तिने 5 ऑगस्ट 2022 दिसा राती कडेन उसरां प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी विरुद्ध एम. आय. डी. सी. पुलीस स्टेशन, मुंबई हांगा तक्रार दाखल केली, तेन्ना तिणें पुलिसांक फोन करपा खातीर '100' क्रमांक डायल केलो आनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हो एक वेवसायीक आसा, ताणें मॉडेलिंगाचें काम दिवपाचें आमीश दाखोवन तिचेर जबरदस्ती केली आनी ती रावताली त्या हॉटेलाच्या रुमाचेर तिचेर बलात्कार केलो असो आरोप केलो.

3.2 06 ऑगस्ट 2022 दिसा सकाळीं एम. आय. डी. सी. पुलीस स्टेशन, मुंबई हांगासर नोंद केल्ल्या अर्जदाराचे जबानीचो संबंदीत भाग सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसाः-

> "......आमी ताचे उपरांत आमच्या कामा बद्दल चर्चा केली, उपरांत जिग्नेशान म्हाका सांगलें, ताका म्हजे कडेन किदें तरी वैयक्तीक उलोवपाचें आसा, म्हणून ताणें म्हाका रुमांत वचूंक सांगलें. जिगनेश म्हाका काम दिवपाचो आशिल्ल्यान रातच्या सवा अकराच्या सुमाराक हांव ताका हॉटेलाच्या रुमार घेवन गेलें. मागीर हांवें ताका उदक जाय काय म्हणून विचारलें, पूण ताणें नाका म्हणलें. मागीर ताणें म्हाका म्हणलें, <u>*"xxx तू जो फील्ड में काम करती है, वो फील्ड में तो तुम्हे पता है क्या क्या करना पडता है"*</u> ("xxx तूं ज्या क्षेत्रांत काम करता, त्या क्षेत्रांत किदें किदें करचें पडटा हें तुका खबर आसा"), त्या वेळार हांवें ताका स्पश्ट किदें तें उलय म्हणून सांगलें. म्हाका तो म्हणूंक लागलो, *"xxx कुछ पाने के लिए कुछ खोना पडता है"* (xxx एकाद्राक खंयचीय गजाल मेळोवंक जाय जाल्यार कसलो ना कसलो त्याग करचो पडटा.) तेन्ना हांवें ताका सांगलें, हांवें पयल्याच दिसा तुका हाचे बद्दल स्पश्टीकरण दिलां. त्या वेळार ताणें म्हणलें, तुका म्हजे कडेन तडजोड करची पडटली, म्हजे बरे संपर्क आसात. तेदे वेळार हांवें ताका स्पश्ट नकार दिलो. <u>*ताचे उपरांत तो खाटी वयल्यान उठलो आनी ताणें म्हाका खाटीचेर धुकलून दिलें आनी ताणें म्हज्या स्तनाक आनी फाटीचेर स्पर्श केलो. हांवें आड्डूंक सुरवात केली आनी ताणें म्हजी मान धरून म्हाका जितें मारपाची धमकी दिली आनी मागीर ताणें शर्टाचे बटण उगडले आनी म्हजे कपडे काडपाचो यत्न केलो. मदींच म्हजी मॅक्सी गळ्या कडेन आनी स्तना कडेन पिजली आनी मागीर ताणें ताच्या हातान आपलें गुप्तांग भायर काडलें आनी म्हज्या लागीं येवपाचो यत्न करूंक लागलो आनी मागीर हांवें ताका जबरदस्तीन धुकलून*</u>

*<u>रुमांतल्यान भायर गेलें आनी सोपणांतल्यान देंवन रिसॅप्शना कडेन आयलें आनी पुलिसांक 100 नंबराचेर फोन केलो"</u>*

3.3 ताचे उपरांत, 06 ऑगस्ट 2022 दिसा सांजे अपीलकर्ता / फिर्यादीचे पुरवणी जबानीची नोंद केली. तातूंतलो संबंदीत भाग सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसाः-

"....... मागीर तो खाटी वयल्यान उठलो आनी म्हाका जोरान खाटीचेर धुकलून दिलें. ह्या वेळार ताणें म्हज्या छातयेक आनी फाटल्यान स्पर्श केलो आनी हांवें घातिल्लो ड्रॅस उखल्लो. हांवें आड्डयो मारून अशें करूं नाका म्हणून विनंती केल्ली आसतना, ताणें म्हजो गळो आंवळून म्हाका जितें मारपाची धमकी दिली. ह्या वेळार म्हजें पुराय आंग थरथर कांपतालें, हांव पुराय भियेल्लें, म्हाका किदेंच कळना जालें. ताचे उपरांत ताणें शर्ट काडलो, पॅण्ट काडली आनी म्हजे कपडे काडपाचो यत्न केलो. आमच्यांत झटापट जाली आनी म्हजी मॅक्सी माने कडेन आनी छातये कडेन पिंदली. झगड्या वेळार ताणें म्हजी निकर सकयल ओडली आनी आपलें गुप्तांग भायर काडलें आनी म्हज्या गुप्तांगांत घुसोवपाचो यत्न केलो. मागीर हांवें ताका जोरान धुकल्लो आनी दार उगडून भायर पळत सुटलें, तेन्ना तो म्हणूंक लागलो, 'तूं भायर वचून हाचे विशीं किदेंय उलयलें जाल्यार हांव तुका आनी तुज्या घरच्यांक मारून उडयतलों.' तो अशी धमकी दिवंक लागलो तरी लेगीत हांव रुमांतल्यान भायर सरलें...."

3.4 अपीलकर्ता / फिर्यादी हांची केस अशी आसा, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीची बाजू घेवपा खातीर आनी ताका वाटावचे खातीर पुलिसांनी तिचे जबानींतलो एक म्हत्वाचो भाग जाणा जावन काडून उडयला. एफ. आय. आर. ची नोंद करतना फकत. भा. दं. सं. च्या कलम 354, 354-बी आनी 506 खाला गुन्यांवाचो फकत उल्लेख केला. प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीन तिचेर बलात्कार केल्ल्याचो आरोप करून लेगीत पुलिसांनी मुद्दाम अपीलकर्ता / फिर्यादीक वैजकीय तपासणी खातीर धाडूंक ना; 5 ऑगस्ट 2022 दिसा राती कडेन सुमार 11.00 वरांचेर अपीलकर्ता / फिर्यादीन फोन केल्या उपरांत पुलीस हॉटेलांत आयले आनी अपीलकर्ताक आनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक पुलीस स्टेशनाचेर व्हेलीं, तरीय अपीलकर्ताक 6 ऑगस्ट 2022 दिसा रातच्या 11.30 ते सकाळीं 5.00 वरां मेरेन दवरली आनी त्या कालावधींत, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाचे कडेन प्रकरण मिटोवपा खातीर तिचेर दबाव घालीत रावले; जेन्ना अपीलकर्ता / फिर्यादी स्वयच्याच तोडग्या खातीर सहमत जावंक ना, तेन्ना पुलिसांक एफ. आय. आर. नोंद करचीच पडली पूण तरीय, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक मजत करपाच्या हेतून पुलिसांनी ताच्या गुन्यांवाची तिव्रताय कमी केली.

**<u>घटना क्रमः</u>**

4. 6 ऑगस्ट 2022 दिसा दनपरां, पुलिसांनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक अतिरिक्त मुख्य म्हानगर दंडाधिकारी[6], न्यायालय क्रमांक 22, अंधेरी, मुंबई हांच्या न्यायालया मुखार हाजीर केलो

आनी ताची न्यायालयीन कोठडी मागली, जी विद्वान ए.सी.एम.एम. हांणी 20 ऑगस्ट 2022 मेरेन मंजूर केली. त्याच वेळार प्रतिवादी क्रमांक 2/ आरोपीन जामिना खातीर[7] विद्वान ए.सी.एम.एम.च्या कोर्टान अर्ज दाखल केलो. राज्या वतीन अतिरिक्त सरकारी वकिलांनी गुन्यांव अजामिनपात्र आशिल्ल्याच्या कारणान विरोध केलो; आनी फौजदारी प्रक्रिया संहिता[8] कलम 164 प्रमाणें पिडितेची जबानी नोंद करपाची उरिल्ली, तपास आजून चालू आसलो आनी जरी आरोपीक जामिनाचेर सोडलो तर तो पुराव्यांनी छेडछाड करूंक शकता अशें मत मांडलें. पूण, 06 ऑगस्ट 2022 दिसा विद्वान ए.सी.एम.एम. हांणी दिल्ल्या आदेशा वरवीं तो अर्ज मंजूर झालो.

5. तपास पथकाच्या हलगर्जीपणाक लागून व्यथीत आशिल्ले अपीलकर्ता / फिर्यादीन त्या क्षेत्रांतल्या पुलीस आयुक्तां कडेन संपर्क सादलो, तिज्या म्हणण्याप्रमाण ताका लागून पूलिस सक्रिय झाले. आनी 7 ऑगस्ट 2022 दिसा तिका फुडली जबानी नोंद करपा खातीर आपयली. उल्लेखीत जबानीच्या आदारान एफ. आय. आर. त भा.दं. सं. कलम 376 खाला गुन्यांव जोडलो. ताका लागून, भा. दं. सं. च्या कलम 376, 354, 354-बी, 506 आनी 506 (2) खाला एफ. आय. आर. ची नोंदणी केली. त्याच दिसा तपास अधिकाऱ्यान अपीलकर्ता / फिर्यादीक पत्र धाडून 8 ऑगस्ट 2022 दिसा वैजकीय तपासणे खातीर हाजीर रावपाची विनंती केली. 8 ऑगस्ट 2022 दिसा एका बायल पुलीस अधिकाऱ्या सयत अपीलकर्ता / फिर्यादीक बृहन्मुंबई म्हानगरपालिकेच्या हॉस्पिटलांत व्हेली जंय, दोतोरान तिची वैजकीय तपासणी केली आनी सकयल दिल्ल्या गजालींची नोंद केलीः-

> “पिडितेन प्रसंग कथीत केल्ल्या प्रमाणें – तिची पिराय 25 वर्सां, बायल, मरोळ, अंधेरी, पश्चीम हांगासल्ल्या हॉटेल सिल्व्हर इन हातूंत जिग्नेश मेहता, दादलो, 48 वर्सां, हाचे कडेन पिडितेची भेट 5.8.2022 रातच्या 11.15 च्या सुमाराक जाली. **जिग्नेसान पिडितेच्या गुप्तांगाचेर, स्तनाचेर, पोटाचेर स्पर्श केलो आनी गळो दाबून जिती मारपाची धमकी दिली आनी स्वताचे कपडे आनी पिडितेचे कपडे जबरदस्तीन काडून उडयले आनी एकदा योनींत आपले जननेंद्रीय, लिंग घातलें.** ताचे उपरांत पिडीत बायल जिग्नेशाक धक्को दिवन रुमांतल्यान भायर धांवली.
>
> **लैंगीक अत्याचार, शारिरीक अत्याचार आनी शाब्दीक अत्याचार जाल्ल्याचो घटनाक्रम आशिल्लो.....**

5.1 तपास अधिकारी जे पद्धतीन तपास करताले ताचे बद्दल असमाधानी आशिल्ली अपीलकर्ता / फिर्यादीन म्हणलें, तिणें 10/08/2022 दिसा अतिरिक्त पुलीस आयुक्त, पश्चीम क्षेत्र हांकां एक अर्ज सादर केलो जातूंत तिणें तपास योग्य रितीन जावचो हाची खात्री करची आनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक अटक करची अशी विनंती केल्ली.

5.2 10 ऑगस्ट 2022 दिसा पुलिसांनी विद्वान एस.सी.एम.एम. हांचे कडेन अर्ज दाखल करून मागणी केली, 8 ऑगस्ट 2022 च्या अर्जा मार्फत एफ. आय. आर. त कलम 376 आय.पी.सी. खाला गुन्यांव वाडयला आनी म्हणून प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक दिल्लो जामीन रद्द जावचो. तो अर्ज मंजूर केलो आनी 23 ऑगस्ट 2022 च्या आदेशा वरवीं विद्वान एसी. एम. एम. हांणी 6 एप्रील 2022 दिसा प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक दिल्लो जामीन रद्द केलो.

5.3 तारीख 06 सप्टेंबर 2022 दिसा अपीलकर्ता / फिर्यादी हांचें पुरवणी निवेदन पुलिसांनी नोंद केलें जातूंत तिणें सकयल दिल्ल्या प्रमाणें नमूद केलाः-

"..... हांवें ताका तेन्नाच न्हयकार दिलो पूण तो खाटी वयल्यान उठलो आनी जबरदस्तीन म्हाका खाटीचेर धुकलून उडयलें. ताणें म्हजे छातयेक आनी फाटल्या भागाक अयोग्य रितीन स्पर्श केलो आनी हांवें घातिल्लो गावन फाटल्यावटेन ओडलो. हांवें आड्ड्यो मारून म्हजेर असलें कृत्य करचें न्हय म्हणून विनंती केली पूण, ताणें म्हजी मान धरली आनी जितें मारून उडोवपाची धमकी दिली. त्या वेळार हांव खूब भियेल्लें, आनी आनीक कसलोच विचार करूंक शकलें ना. **ताचे उपरांत ताणें शर्टाचीं बटणां काडलीं, पॅण्ट काडली आनी म्हजे कपडे काडून उडोवपाचो यत्न केलो. ताचे उपरांत झटापटींत म्हजो गावन माने कडेन आनी स्तना कडेन पिजलो. संघर्शा मजगतीं ताणें म्हजी चेड्डी सकयल ओडली, ताचें लिंग ताणें भायर काडलें आनी म्हज्या गुप्तांगांत घुसयलें.....**"

5.4 तारीख 17 सप्टेंबर 2022 दिसा प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीन फौ. दं. प्र. कलम 438 खाला एफ. आय. आर. संदर्भांत अटकपूर्व जामिना खातीर विद्वान अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश, बोरीवली विभाग, दिंडोशी (बोरीवली विभाग), गोरेगाव, मुंबई हांच्या न्यायालयान अर्ज[9] दाखल केलो. राज्य सरकार आनी अपीलकर्ता / फिर्यादीचे वकील हांणी हे केशींत हस्तक्षेप अर्ज दाखल केला आनी तांणी केल्ले युक्तीवाद तशेच आरोपी मार्फत केल्लो युक्तीवाद लक्षांत घेतल्या उपरांत विद्वान अतिरिक्त सत्र न्यायाधिशांनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीचो अटकपूर्व जामीन अर्ज सकयल दिल्ल्या निरिक्षणां सयत न्हयकारलोः-

"12 हें लक्ष्यान घेवप उचित थारतले की फौ. प्र. सं च्या कलम 438 खाला दाखल केल्ल्या अर्जांत अर्जदारान असामान्य आनी विचित्र दिसपी कितल्याशाच तथ्यांचो उल्लेख केला. पिडितेन तिच्या इश्टां वांगडा आयोजीत केल्ल्या हनी ट्रॅपाचो आपूण बळी आशिल्ल्याचो प्रतिवाद अर्जदारान केल्लो आसलो तरीय, अर्जाच्या परिच्छेद क्रमांक 8 त अर्जदारान, तो क्लब एमराल्डाचो आजिवन वांगडी आसा, जंय तो मनरिजवण आनी तंदुरुस्ती खातीर वता असो युक्तीवाद केला. अर्जाच्या परिच्छेद क्रमांक 14 त प्रथमदर्शनी जें सांगलां तें सामान्य

मानवी वर्तणुकेचे पद्धतींत मान्य दिसना. अर्जदार स्वताक नामांकीत वेवसायीक आशिल्ल्याचो दावो करता, तो क्लबांत आजिवन वांगडी म्हणून येता, अशें ताणें परिच्छेद क्रमांक 14त नमूद केलां, हॉटेलाच्या उल्लेखीत रुमांत फिर्यादीन ताका आपयलो आनी तिणें ताचे मानेचेर आनी गालाचेर चूंबन घेवपाक सुरवात केली आनी अर्जदाराच्या शरिराचेर हात लेगीत चोळूंक लागली आनी जेन्ना अर्जदारान तिका थांबयली तेन्ना फिर्यादी अदीक आक्रमक जाली आनी तिणें अचानक अर्जदारा कडेन 15,00,000/- रुपयांची मागणी केली.

13. अर्जांत नमूद केल्ल्या आदारांचो विचार केल्यार स्पश्ट जाता, घटनेच्या वेळार तो उल्लेखीत हॉटेलाच्या रुमांत पिडिते वांगडा आशिल्लो, हाचेर अर्जदारान वाद घालूंक ना. पुरवणी निवेदनांतल्या मजकुरा कडेन दुर्लक्ष केलें तरी एफ. आय. आर. तले तथ्य प्रथमदर्शनी आय. पी. सी. च्या कलम 376 खाला गुन्यांव सिद्द करता. ताका लागून वयर उल्लेखीत आरोपांच्या अनुशंगान गुन्यांवाचें गांभीर्य आनी ख्यास्तीचें स्वरूप लक्षांत घेतल्यार अर्जदारा कडल्यान सी. आर. पी. सी. कलम 438 खाला जामीन मंजूर करूंक प्रथमदर्शनी खंयचीच बाजू तयार करिनात अशें म्हजें मत आसा.

**<u>आक्षेपीत आदेशः-</u>**

6. प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी उपरांत अटक जामीन[10] मागपा खातीर उच्च न्यायालयांत गेलो. तारीख 21 सप्टेंबर 2022 च्या पयल्या वादग्रस्त आदेशा प्रमाणें, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक सकयल दिल्ल्या आदेशा सयत अंतरीम संरक्षण दिलेः-

"1. अर्जदाराचो विद्वान वकील आनी राज्या खातीर ए.पी. पी. (सहाय्यक सरकारी अभियोक्ता) हांचो युक्तीवाद आयकलो.

2. वेवसायान मॉडेल आशिल्ले फिर्यादीन दिल्ले फिर्यादी वयल्यान तारीख 6/8/2022 दिसा एम. आय. डी. सी. पुलीस स्टेशनांत 2022 चो सी. आर. क्र. 915 दाखल केलो आनी अर्जदारान आपलो विनयभंग केल्ल्याची तक्रार पुलीस स्टेशनांत दिली. ताका लागून भा. दं. सं. कलम 354,354-ब,506 खाला गुन्यांव दाखल केलो.

त्याच दिसा म्हणल्यार 06/10/2022 दिसा फिर्यादीन तिचे पुरवणी जबानीची नोंद केली आनी ह्या वेळार तिणें ताचे फुडें वचून घडणूक विस्तारान सांगली आनी चुकीचे पद्दतीन स्पर्श केल्या उपरांत तिका खाटीचेर धुकलून उडयली आनी जबरदस्तीन संभोग करपाचो यत्न केलो अशें तिणें सांगलें. जाल्ले हाणामारींत तिणें घातिल्ले कपडे पिंदले आनी तिणें ताका दारा भायर धुकल्लो, मात रुमांतल्यान भायर सरतना ताणें घडिल्ली घटना कोणाकूच सांगूंक नाका, अशी धमकी दिली. तिणें रिसॅप्शन विभागांत वचून फोन केलो.

एका म्हयन्या उपरांत म्हणल्यार 06/09/2022 दिसा फिर्यादीच्या कथनांत आनीक बदल जालो, जंय ती म्हणटा, लिंग प्रवेशाचो अत्याचार जाल्लो आनी तिणें ताका धक्का बुक्की केली आनी रिसॅप्शनांत पळून गेली हें दुसरें वर्णन तशेंच उरलें.

3. आदींच्या प्रसंगार अर्जदाराची जामिनाचेर सुटका केल्ली, जेन्ना विशय सी. आर. (गुन्यांव नोंद) आय. पी. सी. च्या कलम 354,354-ब आनी 506 खाला नोंद केल्लो, पूण पुरवणी जबानीची नोंद केल्या उपरांत सी. आर. त कलम 376 जोडलें आनी आदलो आदेश ताचे बाजून आसून लेगीत, अर्जदाराक ताचे अटकेचो भंय आसलो, तरीय आदलो आदेश रद्द केलो. **फिर्यादीच्या कथनांतली भिन्नताय पळयल्यार, सत्य तपाशी नासतना, ह्या टप्प्याचेर, ही भिन्नताय आमकां अंतरीम आदेशा वरवीं अर्जदाराचें संरक्षण करूंक प्रवृत्त करता.** तपासांत ताणें सहकार्य करचे हे अटीचेर आनी तपास अधिकाऱ्या मुखार येवपी पुरावे हांचे अधीन रावन ताची कोठडींत चवकशी करप गरजेची आसा काय, हाचे बाबतींत फुडली कार्यवाही निश्चीत करतले. म्हणून, सकयल दिल्लो आदेश.

**आदेशः**

अ) एम.आय.डी.सी. पुलीस चौकेर दाखल केल्ल्या २०२२ च्या सी.आर. क्रमांक 915 च्या प्रकरणांत अटक जाल्यार, अर्जदार जिग्नेश मेहता हाका 25,000/- रुपया चो पी. आर. बॉण्ड सादर करून एक वा दोन जामिनदारांच्या समान रकमेच्या हमी सयत जामिनाचेर सोडचो.

आ) अर्जदारान 27 ते 30 सप्टेंबर 2022 मेरेन दनपरां 2.00 ते सांजेवेळा 5.00 मजगतीं संबंदीत पुलीस स्टेशनांत हाजीर रावंक जाय.

इ) अर्जदारान खटल्याचे वस्तुस्थिती कडेन संबंद आशिल्ले खंयचेच व्यक्तीक प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान प्रलोभन, धमकी वा आश्वासन दिवचें न्हय, जाका लागून ताका न्यायालय वा खंयच्याय पुलीस अधिकाऱ्या मुखार तथ्य उकतें करपा पासून परावृत्त करतलें आनी ताचे कडल्यान पुराव्यां कडेन छेडछाड जावची ना.

7/10/2022 दिसा अर्जांची वळेरी."

6.1 वयलो आदेश पारीत जालो हे कळ्ळ्या उपरांत अपीलकर्ता / फिर्यादी हांणी उच्च न्यायालयांत हस्तक्षेपा खातीर[11] अर्ज दाखल केलो. 7 ऑक्टोबर 2022 च्या दुसऱ्या आक्षेपीत आदेशा वरवीं, प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपीन दाखल केल्लो जामीन अर्ज सकयल दिल्ल्या आदेशा सयत मंजूर केलोः-

"2. फिर्यादीच्या कथनांत जाल्लीं सुदारणां आनी ती एका म्हयन्या परस चड काळा उपरांत आयिल्ल्यान अर्जदाराक अंतरीम आदेशा वरवीं संरक्षण दिलें आनी ताका तपास अधिकाऱ्या कडेन रिपोर्ट करपाचो आदेश दिलो. ते प्रमाणें ताणें तपास अधिकाऱ्या कडेन रिपोर्ट केला आनी ताची वैजकी तपासणी करून मोबायल जप्त केला.

3. वयले फाटभुंयेचेर, अर्जदारान तपासांत सहकार्य केल्ल्यान 21/09/2022 दिसाचो आदेश कायम केलो.

7. वयल्या दोन आदेशांक लागून असमाधानी जाल्ले अपीलकर्तान / फिर्यादीन सध्याचें अपील केलां, जातूंत 18 नोव्हेंबर 2022 दिसा नोटीस जारी केल्ली. सुनावणेचे फुडले तारखेच्या पयलीं प्रतिवादी क्रमांक 1 / राज्य आनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोप्यांच्या वतीन वकिलांनी हाजिरी लायली आनी प्रती-प्रतिज्ञापत्र दाखल करूंक वेळ मंजूर जालो. प्रतिवादी क्रमांक 1 / राज्य आनी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोप्यां खातीर प्रति-प्रतिज्ञापत्र दाखल केल्यांत.

<u>पक्षकारांच्या विद्वान वकिलांनी मांडिल्ले युक्तीवादः</u>

अ. <u>अपीलकर्ता / फिर्यादी हांचे वकील</u>

8. अटकपूर्व जामीन मंजूर करतना प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीं वयल्या आरोपांचें स्वरूप आनी गंभीरताय मतींत घेवपांत उच्च न्यायालय अपेशी थारलां, असो आग्रो अपीलकर्ता / फिर्यादी हांचे वतीन ज्येश्ठ वकील आर. बसंत हांणी केला; पयल्या आक्षेपीत आदेशांत अशा निरिक्षणाची नोंद करतना *"फिर्यादीच्या कथनांतलीं मुखेल तफावती .....म्हाका अंतरीम आदेशा वरवीं अर्जदाराचें रक्षण करपाक सतत प्रभावीत करतात"*, एफ. आय. आर. त नोंद केल्ले आरोप भा. दं. सं. च्या कलम 376 खाला गुन्यांव सिद्ध करपा खातीर फावोशे आसात, हें उच्च न्यायालयान मान्य करूंक ना; उच्च न्यायालयान 17 सप्टेंबर 2022 दिसाच्या आदेशांत बोरीवलीच्या अतिरिक्त सत्र न्यायाधिशांनी केल्ल्या निरिक्षणां कडेन आडनदर केली, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीचो अटकपूर्व जामीन अर्ज भायर मारिल्लो, कारण पुरवणी जबानींतल्या मजकुरा कडेन आडनदर केली तरी एफ. आय. आर. त केल्ले दावे सुरवेक भा. दं. सं. चें कलम 376 खाला गुन्यांव थारतात; अटकपूर्व जामिना खातीरच्या अर्जांत अपीलकर्ता / फिर्यादीन दाखल केल्लो हस्तक्षेप अर्ज[12] आसुनूय तिका आपली बाजू मांडपाची संद दिली ना; प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीच्या जामिनाच्या[13] अर्जाचेर विचार करतना आनी ताका अटकपूर्व जामीन दिवपाचो आदेश दितना आवश्यक आशिल्ल्या कायदेशीर तत्वांचें उल्लंघन करपाचो हो प्रकार आसा, जशें ह्या न्यायालयान प्रशांत कुमार सरकार विरुद्ध आशिष चॅटर्जी आनी हेर[14] सयत साबार न्यायालयीन निकालांनी नमूद केलां; प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी

हो एक गिरेस्त आनी प्रभावशाली वेपारी आसा, जाणें एफ.आय.आर दाखल करूंक कळाव करपा खातीर आपल्या प्रभावाचो वापर केलो आनी अटकपूर्व जामीन मंजूर केलो, हे वस्तुस्थिती कडेन उच्च न्यायालयान आडनदर केली, की हे खातीर तो अपीलकर्ता / फिर्यादीचे हानी खातीर साक्षिदारांचेर प्रभाव घालूंक शकता.

<u>**बी.** प्रतिवादी क्र. 2 /आरोपी खातीर वकील</u>

9. दुसरे वटेन, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीच्या वतीन बाजू मांडपी विद्वान वरिश्ठ वकील श्री. संजय आर. हेगडे हांणी आक्षेपार्ह आदेशाचो बचाव केला आनी म्हणलां की, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक अंतरीम संरक्षण दिवपी पयलो आदेश पारीत जाल्या उपरांत ताका खूब तारखांक चवकशे खातीर आपयिल्ले आनी फावो तें सहकार्य केलां आनी जेन्ना जेन्ना ताका पुलीस चौकेर आपयल्लो तेन्ना तेन्ना तो हाजीर रावला; तो ए.सी.एम.एम. अंधेरी आनी मानादीक अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश, बोरीवली हांच्या न्यायालयांत सगळ्या सुनावणे खातीर हाजीर राविल्लो; हे घटनेचो प्रत्यक्षदर्शी साक्षिदार ना; परिस्थितीजन्य पुरावे आनी वैजकी अहवाल प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी आड अपीलकर्ता / फिर्यादीन केल्ल्या आरोपांचें समर्थन करिना; आरोपीक अटकपूर्व जामीन दिवपाच्या आदेशांत हस्तक्षेप करपाचें खंयचेंच कारण दिसना, खास करून, जेन्ना अपीलकर्ता / फिर्यादी वा राज्याच्या वकिलांनी जामीन रद्द करपाची खंयचीच प्रतिकूल परिस्थिती नदरेक हाडून दिवंक ना.

**सी. राज्य सरकारा वतीन वकील – प्रतिवादी क्रमांक 1**

10. ह्या प्रकरणा संबंदांत सत्र न्यायालयांत 21 ऑक्टोबर 2022 दिसा आरोपपत्र दाखल केलां आनी सरकारी पक्षा कडल्यान 25 साक्षिदारांचो उल्लेख केला आनी तातूंतले 12 स्वतंत्र साक्षिदार आसात, अशी माहिती राज्य सरकाराचे वकील नितिन लोणकर हांणी न्यायालयाक दिली. हें प्रकरण आतां 27 जुलय 2023 दिसा आरोपाचेर युक्तीवादा खातीर सुचीबद्द केलां.

## <u>विश्लेशण, व्याख्या आनी संदर्भीय निर्णयः</u>

11. आमी पक्षकारांच्या वकिलांचें म्हणणें आयकलें आनी अभिलेखां वयल्यो नोंदी तपासल्यो. हो आदेश पळयल्यार अशें दिसता, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीक अंतरीम संरक्षण दिवंक उच्च न्यायालयाक तयार करपाचो मुळावो आदार म्हणल्यार अपीलकर्ता / फिर्यादीन तिच्या 06 ऑगस्ट, 2022 दिसा फांतोडेर एफ. आय. आर. त नोंद केल्ल्या आनी तेच तारखेक सांजेवेळार नोंद केल्ल्या तिच्या पयल्या पुरवणी निवेदनांत आनी 06 सप्टेंबर 2022 ह्या दिसा एका म्हयन्या उपरांत नोंद केल्ल्या दुसऱ्या पुरवणी निवेदनांत, अतिरिक्त आरोपांची भर घालून घटनेचें कथानक सुदारपाचो यत्न केला.

उच्च न्यायालयाच्या उतरांनी सांगपाचें जाल्यार, *“फिर्यादीच्या कथनांत मुखेल तफावती आशिल्यो .....”*. दुसऱ्या आदेशांत वयल्या निरिक्षणाचो परतून उच्चार केला, आनी प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपीन तपास अधिकाऱ्याक रिपोर्ट केल्लो, ताची वैजकी तपासणी केल्ली आनी मोबायल फोन जप्त केल्लो, हें तथ्य मतींत घेवन, ह्या पयलीं दिल्लो अंतरीम आदेश निरपेक्ष केल्लो[16].

11.1 आमी अटकपूर्व जामीन नियंत्रण सकयल दिवपा खातीर खंयच्या गजालींचो विचार करूंक जाय हाचो त्वरीत विचार करपाचो प्रस्ताव मांडता . जामिनाच्या अर्जाचेर निर्णय घेतना न्यायालयान पुराव्यांचें विस्तारान विश्लेशण करप टाळचें, आरोपीन गुन्यांव केला काय ना हें दाखोवपी कांय पटपा सारकीं कारणां वा गुन्यांवाची गंभीरताय दाखोवपी वस्तुस्थिती विचारांत घेवपा सयत पयलीं पळयताक्षणी दिसपी मुद्द्यांचेर लक्ष केंद्रीत करूंक जाय, ही महत्त्वाची वस्तुस्थिती दाखोवपी ह्या न्यायालयाच्या निर्णयांची एक वळेरीच आसा. त्या टप्प्याचेर पुराव्यांच्या विश्लेशणांभितर सखोल वचपाचेर आपघोशीत निर्बंध वैध कारणां खातीर आसात, म्हणल्यार, फिर्यादी वा बचाव पक्षान दाखल केल्ल्या खटल्यांत खंयचोच पूर्वग्रह आसूंक जायना आनी खटलो सोंप मेरेन प्रकरणाचे सगळे पैलू उकते दवरचे.

12. *प्रशांत कुमार सरकाराचे केशींत* (*वयर उल्लेख केल्ली*), ह्या न्यायालयाच्या खंडपिठान अटकपूर्व जामीन अर्जाचेर विचार करतना खंयच्यो गजाली मतींत घेवंक जाय हें ठळकपणान सांगिल्लें आनी अशें नमूद केल्लें कीः-

> “9. हो आदेश टिकून उरूंक शकना अशें आमचें मत आसा. आरोपींक जामीन मंजूर करपाच्या वा तो भायर मारपाच्या उच्च न्यायालयान दिल्ल्या आदेशांत हें न्यायालय हरशीं हस्तक्षेप करिना ही गजाल नवी न्हय. पूण, ह्या मुद्द्याचेर ह्या न्यायालयाच्या खूब निर्णयांनी नमूद केल्ल्या मुळाव्या तत्वांचें बारीकसाणेन, सावधपणान आपल्या विवेकबुद्धीन आनी काटेकोरपणान पालन करप उच्च न्यायालयाचेर तितकेंच बंधनाचें आसा. हें सर्वमान्य आसा की, हेर परिस्थितींनी, जामीन अर्जाचेर विचार करतना मतींत घेवपाच्यो गजाली सकयल दिल्ले प्रमाणें आसातः
>
> (i) आरोपीन गुन्यांव केल्लो अशें मानपाचें खंयचेंय सुरवेचें वा वाजवी कारण आसा काय;
> (ii) आरोपाचें स्वरूप आनी गंभीरताय;
> (iii) दोशी थारल्यार ख्यास्तीची तिव्रताय;
> (iv) जामिनाचेर सुटल्यार आरोपी फरार जावपाचो वा पळून वचपाचो धोको;
> (v) आरोपीचें चारित्र्य, वर्तन, संपत्ती, हुद्दो आनी स्थिती;
> (vi) गुन्यांवाची पुनरावृत्ती जावपाची शक्यताय;
> (vii) साक्षिदारांचेर प्रभाव घालपाचो भंय; आनी

(viii) जामीन मेळिल्ल्यान न्यायाक खीळ बसपाचो अर्थात धोको.

[पळयात ***उत्तर प्रदेश राज्या तर्फे सी.बी.आय. विरुद्ध अमरमणि त्रिपाठी***[17]***, प्रल्हाद सिंग भाटी विरुद्ध एन.सी.टी. दिल्ली आनी आनीक एक*** [18] ***आनी राम गोविंद उपाध्याय विरुद्ध सुदर्शन सिंह आनी हेर***[19] ]

13. *मसरूर वि. उत्तर प्रदेश राज्य आनी* ***आनीक एक*** हेर[20] ह्या प्रकरणांत न्यायमुर्ती डी. के. जैन हांच्या खंडपिठान अशें मत मांडलें की, न्यायालयांनी यांत्रीक पद्दतीन जामीन दिवप टाळूंक जाय आनी संबंदीत विचार नाशिल्ल्यान अशा आदेशांत हस्तक्षेप जावपाची शक्यताय आसता. ह्या आदेशाचो परिच्छेद 13 समर्पक आसा आनी तो सकयल दिलाः-

> "13. .......जामीन मंजूर करतना पुराव्याची सविस्तर तपासणी आनी खटल्याचे गुणवत्तेक स्पर्श करपी सविस्तर कारणां, जाका लागून आरोपीच्या संदर्भांत पक्षपात जावंक शकता, हें टाळूंक जाय, पूण पयल्याच पावंड्यार जामीन किद्याक दिता, हाची कारणांय, विशेशपणान जेन्ना आरोपीचेर गंभीर गुन्यांव केल्ल्याचो आरोप आसता अशा आदेशांत दिवपाची गरज आसा.

(हें पासून पळयात -***महाराष्ट्र राज्य विरुद्ध रितेश,***[21] ***पंचानन मिश्रा विरुद्ध दिगंबर मिश्रा आनी हेर*** [22]***, विजय कुमार विरुद्ध नरेंद्र आनी हेर*** [23] ***आनी अन्वरी बेगम विरुद्ध शेर मोहम्मद आनी आनीक एक***[24])"

(हाचोय संदर्भ घेवचो- ***नीरू यादव विरुद्ध उत्तर प्रदेश राज्य आनी आनीक एक***[25] ***; अनील कुमार यादव वि. राज्य (दिल्ली एन.सी.टी.) आनी आनीक एक***[26] ***आनी महिपाल विरुद्ध राजेश कुमार उर्फ पोलिया आनी आनीक एक*** [27])

14. आरोपींचे जामीन अर्ज भायर मारल्यात त्या आदींच्या आदेशां कडेन लक्ष दिवपाच्या गरजेचेर भर दिवन, ***कल्याण चंद्र सरकार विरुद्ध राजेश रंजन उर्फ पप्पू यादव आनी आनीक एकलो***[28] हातूंत ह्या न्यायालयान असो निर्णय दिलाः-

> "12. जातूंत आदींचे जामीन भायर मारल्यात, अशा प्रकरणांनी आदींचे जामीन अर्ज खंयच्या आदाराचेर भायर मारल्यात हें मतींत घेवन जामीन मंजूर करपाच्या फुडल्या अर्जाचो विचार करपाची फुडली जापसालदारकी न्यायालयाचेर आसा आनी अशा विचारा उपरांत जरी न्यायालयाचें अशें मत आसत की, जामीन मंजूर करुंकूच जाय तर, संबंदीत न्यायालयान आदीचे जामीन अर्ज भायर मारील्ले आसतना लेगीत, उपरांतचो जामिना खातीरचो अर्ज किद्याक मंजूर करचो हाचीं विशिश्ट कारणां दिवचीं पडटलीं.

15. ***सुशीला अग्रवाल आनी हेर विरुद्ध राज्य (दिल्ली एन.सी.टी.) आनीक एकलो***[29] ह्या प्रकरणांत, पांच न्यामूर्तींच्या घटना पीठाक, विचार करपा खातीर तयार केल्ल्या सकयल दिल्ल्या दोन प्रस्नांचेर, वेग-वेगळ्या संख्यांच्या गटांच्या विवीध खंडपिठांच्या परस्पर विरोधी मतांक तोंड दिवचें पडलें:-

"(i) फौ.प्र.सं. च्या कलम 438 खाला एकाद्रे व्यक्तीक दिल्लें संरक्षण थारावीक काळा पुरतें मर्यादीत दवरचें काय किते?, जाका लागून ती व्यक्ती न्यायचवकशी न्यायालया मुखार शरण येतली आनी नियमीत जामीन मेळयतली.

(ii) अटकपूर्व जामिनाचें आयुश्य न्यायालयान समन्स धाडिल्ल्या वेळार आनी ह्याच टप्प्याचेर सोंपचें काय किते ?

सविस्तर चर्चे उपरांत, घटनापिठान कायद्याचीं पुस्तकां चाळून पळयलीं आनी परिच्छेद 91 हातूंतल्या वयर दिल्ल्या संदर्भाची जाप सकयल्या उतरांनी दिली :-

"91.1 प्रस्न 1 विशीं, हें न्यायालय म्हणटा की, कलम 438 फौ.दं.सं. खाला एकाद्रे व्यक्तीक दिल्लें संरक्षण सदांच थारावीक काळा पुरतें मर्यादीत आसूंक जायना; वेळाचें कसलेंच बंधन दवरिनासतना ते आरोपीच्या बाजून आसूंक जाय. कलम 437 (3) आनी कलम 438 (2) अंतर्गत सामान्य अटी लागू करूंक जाय; खंयच्याय गुन्यांवा संदर्भांत विशिश्ट तथ्यां वा खाशेलपणां आसल्यार न्यायालयाक खंयचीय अट (सवलतीचें निश्चीत स्वरूप, वा एकाद्रे घडणुके कडेन संदर्भ हाचो आसपाव) लागू करपाक मेकळीक आसतली.

91.2 ह्या न्यायालया कडेन आशिल्ल्या दुसऱ्या प्रस्नाच्या संदर्भांत, अशें म्हणलां की, अटकपूर्व जामीन आदेशाचें आयुश्य वा कालावधी सामान्यपणान आरोपीक न्यायालयान समन्स धाडटना वा आरोप निश्चीत करपाच्या वेळार सोंपना, पूण तो खटलो सोंप मेरेन चालू उरूंक शकता. परतून, जरी न्यायालयाक अटकपूर्व जामिनाची मुजत मर्यादीत दवरपाची कांय विशिश्ट परिस्थिती गरजेची आसा अशें दिसलें जाल्यार तशें करपाक ताका मेकळीक आसा."

16. ह्या संदर्भाक दिल्ल्या जापांच्या संदर्भांत, फौ.प्र.सं. च्या कलम 438 खाला अर्ज दाखल जाता तेन्ना खंयच्या गजालीं कडेन लक्ष दिवचें हे विशीं घटनापिठान आपलें मत सकयल दिल्ले प्रमाणें मांडलां आनी अशें निरिक्षण केलां :-

"92.3 कलम 438 फौ.प्र.सं. तल्यो तरतुदी, न्यायालयांक वेळ वा तपास वा चवकशे मजगती आदींनी, पुलिसां वरवीं, एफ.आय.आर. दाखल केल्या उपरांत वा खंयच्याय साक्षिदाराची जबानी नोंद करतना, मर्यादीत वेळे मेरेन सुसेग मर्यादीत करूंक सक्ती करिना वा बांदील करिनात. **अर्जाचेर विचार करतना (अटकपूर्व जामीन दिवंक) न्यायालयाक गुन्यांवाचें स्वरूप,**

**ते व्यक्तीची भुमिका, तपासाचे प्रक्रियेचेर ताचो प्रभाव पडपाची शक्यताय वा पुराव्यां कडेन छेडछाड (साक्षिदारांक धमकावपा सयत), न्याया पासून पळून वचपाची शक्यताय (जशें की, देश सोडून वचप), आदींचो विचार करचो पडटा....**

92.4 अटकपूर्व जामीन दिवचो की न्हयकारचो हाचो विचार करतना गुन्यांवाचें स्वरूप आनी गांभीर्य, अर्जदाराची भुमिका आनी खटल्याची वस्तुस्थिती ह्या सारकिल्ल्या गजालींचो विचार न्यायालयां खातीर मार्गदर्शक थारूंक शकता. मान्यताय दिवची की ना, हो विवेकी अधिकार क्षेत्राचो विशय आसा; तशेंच तशें आसल्यार, खंयचे तरेच्यो विशेश अटी लावच्यो (वा लावच्यो न्हय) हें खटल्यांतले वस्तुस्थितीचेर निंबून आसता आनी न्यायालयाच्या विवेकाचे अधीन आसता.

xxxx xxxx xxxx

92.6 अटकपूर्व जामिनाचो आदेश हे "ब्लँकेट" आसूंक जायना, म्हणल्यार जाका लागून आरोपीक फुडले गुन्यांव करूंक मेळूंक जायना आनी अटके सावन बेमुजत संरक्षणाचो दावो करूंक मेळूंक जायना. एकाद्रे विशिश्ट घडणुकेच्या संदर्भांत ज्या गुन्यांवा खातीर वा घडणुके खातीर अटकेचो भंय आसा ताचे खातीर तें मर्यादीत आसूंक जाय. फुडाराक एकाद्या गुन्यांवांत घडिल्ले घडणुकेच्या संदर्भांत तें लागू जावंक शकना."

17. ***मायकला धर्मराजम आनी हेर विरुद्ध तेलंगणा राज्य आनी आनीक एक***[30], हातूंत अशें नमूद केलां की, जामीन मंजूर करपी संबंदीत न्यायालयान कांय विशिश्ट गजालींचो विचार केलो ना जाल्यार अपिलीय न्यायालय वा वरिश्ठ न्यायालय जामीन दिवपाचो आदेश रद्द करूंक शकता, अशें निरिक्षण नोंद करीत ह्या न्यायालयान फुडें दिल्ले प्रमाणें म्हणलां:-

"9. जामीन दिवपाच्या आदेशांत त्रुटी आसल्यार आनी न्याय जायना अशें दिसून आयल्यार जामीन रद्द करूंक शकतात, असो सामान्य कायदोच आसा. जामीन मंजूर करपी न्यायालयान सुरवेक आरोपीचो सहभाग दाखोवपी संबंदीत सामग्री कडेन दुर्लक्ष केलें वा आरोपींक जामीन दिवपाच्या प्रस्ना कडेन कांय संबंद नाशिल्ले अप्रासंगीक अशें किदें तरी विचारांत घेतलें, जाल्यार उच्च न्यायालय वा सत्र न्यायालयान जामीन रद्द करप योग्य थारतलें."

18. ***सुप्रीम भिवंडी वाडा मनोर इन्फ्रास्ट्रक्चर प्रायव्हेट लिमिटेड विरुद्ध महाराष्ट्र राज्य आनी आनीक एक***[31] हातूंत वयल्या मताचो पुनरुच्चार केला.

19. ***प्रदीप राम विरुद्ध झारखंड राज्य आनी आनीक एकलो***[32] हातूंत फौजदारी खटल्यांतल्या आरोपीक जामीन मेळोवन दिल्या उपरांत तातूंत उपरांत नव्या गुन्यांवांची भर पडली आनी आरोपीक ताब्यांत घेवपा खातीर हाचे पयलीं दिल्लो जामीन रद्द करप खरेंच आवश्यक आसा काय, असो प्रस्न

निर्माण जालो. ह्या न्यायालयाच्या खंडपिठान उच्च्व न्यायालयां सयत साबार उच्च न्यायालयांनी घेतिल्ल्या मतांची तपासणी केली. राजस्थान, मद्रास, अलाहाबाद आनी जम्मू-काश्मीर तशेंच ह्या संदर्भांत ह्या न्यायालयान फाटल्या निर्णयांनी केल्लीं निरिक्षणां, फुडें दिल्ले प्रमाणें नमूद केल्यांत:-

"31. वयली चर्चा लक्षांत घेतल्या उपरांत, आरोपीक जामीन मंजूर जाल्या उपरांत आनीक दखलपात्र आनी अजामीनपात्र गुन्यांवांची भर पडटा, अशे परिस्थिती संदर्भांत आमी सकयल दिल्ल्या निश्कर्शां मेरेन पावतात:

31.1 आरोपी आत्मसमर्पण करूंक शकता आनी नव्यान जोडिल्ल्या दखलपात्र आनी अजामीनपात्र गुन्यांवां खातीर जामीन अर्ज करूंक शकता. जामीन न्हयकारल्यार आरोपीक निश्चीतपणान अटक जाता.

31.2 तपास यंत्रणा आरोपीक अटक करपा खातीर आनी ताका बंदखणींत घालपा खातीर फौ.प्र.सं. कलम 437 (5) वा 439 (2) फौ.पं.सं. खाला न्यायालया कडेन आदेश मागूंक शकता.

31.3 [इडीः परिच्छेद 31:3 तारीख 31-7-2020 च्या अधिकृत पत्रा वरवीं सुदारीत. ] न्यायालय जे व्यक्तीक हे आदींच जामीन मंजूर जाला, तिका फौ.पं.सं. च्या कलम 437 (5) तशेंच कलम 439 (2) खाला आशिल्ल्या अधिकाराचो वापर करून तिचो जामीन रद्द करून आरोपीक ताब्यांत घेवपाचे निर्देश दिवंक शकता. न्यायालय फौ.पं.सं. च्या कलम 437 (5) तशेंच कलम 439 (2) खाला जे व्यक्तीक हे आदींच जामीन मंजूर जाला, तिचेर गंभीर आनी अजामीनपात्र गुन्यांवांची वाड जाल्ल्यान तिका अटक करपाचे आनी कोठडेंत बंद करपाचे आदेश दिवंक शकता. हातूंत प्रत्येक प्रकरणांत आदींच जामीन रद्द करप हाचो आसपाव आसपाची गरज ना.

31.4 एकाद्या आरोपीक ह्या आदींच जामीन मंजूर जाला आसत, जाल्यार ताणें तातूंत आनीक एकाद्या गुन्यांवाची भर घातल्या आसत जाल्यार तपास अधिकारी आरोपीक अटक करूंक शकचो ना, पूण अशा गुन्यांवांत आरोपीक अटक करपा खातीर तो जामीन मंजूर केल्ल्या न्यायालया कडल्यान आरोपीक अटक करपाचे आदेश घेवप गरजेचें आसा.

20. वयर दिल्ल्या ***प्रदीप राम*** प्रकरणांत नोंद केल्लीं निरिक्षणां स्पश्टपणान पारखणी करतना, जेन्ना आरोपीचो जामीन अर्ज विचारांत घेवन ताचेर ताच्या बाजून आदेश पारीत केल्लो, आनी जरी न्यायालयान आदीं जामीन मंजूर करपाचो आदेश आरोपीच्या बाजून पारीत केल्लो, तरीय गंभीर गुन्यांवाचो आसपाव जावपाचे परिस्थितींत न्यायालय आरोपीक अटक करपाची आनी ताका कोठडींत धाडपाचे निर्देश दिवंक शकता. आरोपीक जामीन मंजूर जाले उपरांत, फुडले जामीनपात्र आनी अजामीनपात्र गुन्यांव पयल्या माहिती अहवालांत समाविश्ट केल्या उपरांत उप्राशिल्ले

परिस्थितींत, प्रत्यार्पण करप आनी नव्यान आसपावीत केल्ल्या गुन्यांवां संबंदान नव्यान जामिना खातीर अर्ज करप हो पर्याय उपलब्ध आसता. तशेंच, तपासणी अभिकरणाक पासून, जामीन आनी बंधपत्रा विशीं नमूद आशिल्ल्या संविधीच्या प्रकरण XXXIIII खाला, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 437 (5)[33] आनी 439 (2)[34] च्यो तरतुदी लागू करून, न्यायालयाक आरोपीचो ताबो दिवपा विशीं विनंती करपाचो हक्क आसा. अशे पद्दतीन सादर केल्ल्या अर्जाचेर न्यायालयान आरोपीक जामिनाचेर सोडिल्लो जाल्यार वा अपिलीय न्यायालय / वरिश्ठ न्यायालय, तांकां प्रदान केल्ल्या अधिकाराचो वापर करून, ही व्यक्ती, जिका पयलींच जामिनाचेर मुक्त केल्लें, तिका अटक करपाचे आनी ताब्यांत घेवपाचे आदेश दितलें.

21. ह्या प्रकरणाचे वस्तुस्थिती कडेन परतून येवून पळयतना , हे गजालींत वाद ना की, जेन्ना प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपी हाणें माननीय अतिरिक्त मुख्य म्हानगर दंडाधिकारी हांचे मुखार तारीख 06 ऑगस्ट, 2022 दिसा जामिना खातीर[35] अर्ज केल्लो तेदे वेळार पयल्या माहिती अहवालांत नमूद गुन्यांव हे भारतीय दंड संहितेचें कलम 354, 354 ब आनी 506 ह्या कलमां खाला आशिल्ले. ताका त्याच दिसा, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 41-अ मदल्या तरतुदींक पाळो दिलो ना, ह्या मुळाव्या कारणाक लागून जामीन मंजूर केलो. ते उपरांत, त्याच पयल्या माहिती अहवालांत, भा.दं.सं. च्या कलम 376 खाला गुन्यांव दाखल केलो आनी उपरांत त्या गुन्यांवाचें स्वरूप भा.दं.सं. चें कलम 376, 354, 354 ब, आनी 506 (2) खाला अदीक गंभीर जालें. ह्या घडणुकांचे फाटभुंयेचेर, सरकार पक्षान प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपीचो जामीन रद्द करपाचो आदेश मेळोवपा खातीर अर्ज दाखल केलो जातूंत हेर गजालीं वांगडाच अशें नमूद केलें की, सुरवातीक आरोपीचेर भा.दं.सं. च्या कलम 354, 354 ब, आनी 506 हांचे खाला आरोप दवरिल्लो, पूण, अपीलकर्ता / अभियोक्ती हिची जबानी नोंद करपाचे प्रक्रियेंत, लायिल्ल्या आरोपांक लागून भा.दं.सं. च्या कलम 376 खाला गुन्यांव जाता ताका लागून हें कलम पयल्या माहिती अहवालाच्या कलमांनी आसपावीत केलें आनी म्हणून ताच्या बाजून मंजूर केल्लो जामीन रद्द करचो पडलो आनी ताका ताब्यांत घेवचो पडलो. मानादीक अतिरिक्त मुख्य म्हानगर दंडाधिकारी हांणी तारीख 23 ऑगस्ट 2022 च्या आदेशान हो अर्ज मान्य केलो. हाचो परिणाम म्हणून, प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपी हाका मानादीक अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश, बोरीवली हांचे मुखार अटकपूर्व जामीन[36] मेळोवपा खातीर धांव घेवची पडली. पूण, वेवस्थीतपणान कारणां दिल्ल्या आदेशा खाला, तो अर्ज भायर मारलो आनी एका मोहजाळाक तो बळी पडलो ह्या ताच्या बचावाचेर विश्वास दवरलो ना. प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपी हाचें द्दढकथन, अपीलकर्ता / अभियोक्ती, तिच्या पुरवणी जबानींतल्या कथनांनी परत परत बदल करता, हें पासून विचारांत घेतलें, पूण तें भायर मारलें आनी अशें निरिक्षण नोंद केलें की, जरी त्या पुरवणी जबानीं कडेन दुर्लक्ष केलें तरीय पयल्या माहिती अहवालांत फावोशी माहिती नमूद केल्ली, जिच्या आदाराचेर भा.दं.सं. च्या कलम 376 खाली गुन्यांव जाल्ल्याचें सिद्ध जालें.

22. अजापाची गजाल म्हणल्यार, वयल्या खंयच्याच गजालींचो दोनूय आक्षेपीत आदेशांनी मात्तूय उल्लेख केल्लो ना. आरोप केल्ल्या गुन्यांवाचें स्वरूप आनी गांभीर्य हांचे कडेन दुर्लक्ष केलां. तेच प्रमाणें, तेच तुलनेंत आरोपीची तशेंच अपीलकर्ता / अभियोक्ती हिची अर्थीक, नैतीक पातळी, ताचें स्थान आनी नावलौकीक हांचे कडेन दुर्लक्ष केलां. उच्च न्यायालयान प्रतिवादी क्र. 2 / आरोपीच्या बाजून अटकपूर्व जामीन मंजूर करपी 3 परिच्छेदांचो आस्पाव आशिल्लो संक्षिप्त आदेश पारित केला जो *"अभियोक्तीच्या कथनांत मुख्य तफावत आसा"* हे गजालीक लागून डळमळीत जाला आणि असो अर्थ दाखयता की ज्या पयल्या माहिती अहवालांत जी मूळची नोंद केल्ली आसा तिचे प्रमाणें भारतीय दंड संहितेच्या कलम 376 खाला परिभाशीत केल्ल्या प्रमाणें बलात्काराचो गुन्यांव घडला अशें म्हणूंक येना जे चुकीचें अनुमान आसा. जरी, तारीख 06 ऑगस्ट, 2022 दिसा सांजे वेळार म्हणल्यार ज्या दिसा सकाळच्या सत्रांत प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी आड पयलो माहिती अहवाल नोंद केल्लो त्याच दिसा सांजे वेळार नोंद केल्ली अपीलकर्ता /आभियोक्तीची पुरवणी जबानी तारीख 6 सप्टेंबर, 2022 दिसा नोंद केल्ली तिची दुसरी पुरवणी जबानी, जांणी अपीलकर्ता /अभियोक्तीची तपासणी केल्ली त्या दोतोरांचो मॅडिको लिगल अहवाल हे एका खिणा खातीर कुशीक दवरले तरी, आमकां अशें दिसलें की, भारतीय दंड संहितेच्या कलम 376 खाला आशिल्ल्यो तरतुदी आकर्शीत जावपा खातीर पयल्या माहिती अहवालांत तरीय फावोश्यो म्हत्वाच्यो गजाली आशिल्ल्यो. आमच्या मतान, ह्या गजालींनी, उच्च न्यायालयाक तांचो योग्यायोग थारावपाचो अधिकार प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाच्या बाजून अटकपूर्व जामीन मंजूर करपा खातीर वापरपा पासून परावृत्त करूंक जाय आशिल्लें.

23. आक्षेपीत आदेशांनी हस्तक्षेप करपा खातीर, ह्या न्यायालयाक विचार करूंक प्रवृत्त करपाचें दुसरें कारण म्हणल्यार, अपीलकर्ता / अभियोक्तीन, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाणें उच्च न्यायालया मुखार दाखल केल्ल्या अटकपूर्व जामिना खातीरचे याचिकेंत हस्तक्षेपा खातीर[38] अर्ज दाखल केला. तरीय तिका सुनावणेची संद दिली ना. दुसरो आक्षेपीत आदेश पळयल्या उपरांत, ही स्थिती तातूंत प्रतिबिंबीत जाल्ली ना. जरीय ते कार्यवाहींत सरकार पक्षाचे बाजून प्रतिनिधी हाजीर आशिल्लो आनी ताणें प्रतिनिधित्व केल्लें, तरीय फकत ह्याच कारणाक लागून अभियोक्तीचो अधिकार न्हयकारूंक जायनाशिल्लो. अशे तरेच्या गुन्यांवांनी, जंय सामान्य पणान फकत अभियोक्ती शिवाय दुसरो कोण साक्षिदार आसना, अशा वेळार, अपीलकर्ताचें म्हणणें आयकून घेवप हें उच्च न्यायालयाचें कर्तव्य आशिल्लें.

24. आमचें मत हें, ***जगजीत सिंग आनी हेर विरुद्ध आशिष मिश्रा उर्फ मोनू आनी आनीक एक***[39] ह्या प्रकरणांत तीन न्यायाधिशांच्या खंडपिठान नोंद केल्ल्या निरिक्षणां प्रमाणें आसा, जातूंत भौमानेस्त न्यायमुर्ती सूर्यकांत हांणी, खंडपिठाच्या बाजून पिडितेचें म्हणणें आयकून घेवपाच्या अधिकारा विशीं आनी लॉ कमिशन ऑफ इण्डिया हांणी तांच्या 154 व्या अहवालांत केल्ल्यो

शिफारशी ज्यो; ***“दरेक फौजदारी कार्यवाही, जातूंत सात वर्सां वा सात वर्सां परस चड बंदखणीची ख्यास्त आशिल्ले आरोप दवरल्यात, तातूंत पक्षकार म्हणून खटलो चलोवपाचो ताचो/तिचो कायदेशीर प्रतिनिधी हांचो अधिकार”*** हाका अधोरेखीत करतात, हाच्या आदारान सकयल दिल्लीं समर्पक निरिक्षणां नोंद केल्यांतः-

> “19. फुडें अशी शिफारस केल्ली की पिडीत व्यक्तीक ताच्या / तिच्या पसंतीच्या वकिलां वरवीं बाजू मांडपाचो अधिकार मेळूंक जाय आनी जर ताका / तिका असो वकील नेमप परवडना जाल्यार राज्यान, स्वखर्चान वकिलाची सेवा दिवंक जाय. समितीन फौजदारी न्यायचवकशेन वांटेकार जावपाचो पिडीत व्यक्तीचो हक्क, तिची / ताची तपासा विशींची स्थिती समजून घेवपाचो आनी ते नदरेन आवश्यक आशिल्लीं पावलां उखलपाचो हक्क वा फौजदारी कार्यवाही मजगतींच्या जामीन मंजूर करपाच्या वा रद्द करपाच्या टप्प्या सयत दरेक निर्णायक स्थितींत ताका / तिका, ताचें / तिचें म्हणणें मांडपाचो हक्क ह्यो गजाली पासून योग्य रितीन वळखल्यो. वयल्या विवेचनांत थोडे भितर नोंद घेतिल्ल्या वेळावेळ केल्ल्या शिफारशींच्या वांगडा न्यायीक हस्तक्षेपाची पुनरावृत्ती, हाका लागून संसदेक फौजदारी प्रक्रिया संहिता (सुदारीत) कायदो 2008 ताबडतोब पारीत करचो पडलो, जाका लागून कलम 2 (ड.ब्ल्यू.) खाला फक्त पिडीत हे संज्ञेचे व्याख्येचो आस्पावच केलो ना जाल्यार न्यायचवकशे मजगतींच्या वेग-वेगळ्या टप्प्यांचेर अशे पिडीत व्यक्तींचे वेग-वेगळे हक्क विधानीक रितीन मान्य पसून केले.
>
> 20. हांगा नमूद करप उचित  जातलें की, विधीमंडळान *“पिडीत”* हे संज्ञेक विचार करून विस्तृत आनी स्पश्ट अर्थ प्रदान केला, *“जाचो अर्थ अशी व्यक्ती जिका आरोपी व्यक्तीचे एकाद्रे कृतीच्या कारणाक लागून लुकसाण वा इजा जाल्ली आसत आनी ते खातीर ह्या आरोपीचेर आरोप दवरिल्ले आसत, तशेंच “पिडीत” हे संज्ञेच्या अर्थांत ताचो / तिचो पालक वा कायदेशीर वारसदार हांचोय आस्पाव जाता”.*

25. प्रस्तूत केशींत फौजदारी न्याय यंत्रणेक हेर खंयच्याय न्हय तर अपीलकर्ता / फिर्यादीन चालना दिली हें हांगा लक्षांत दवरूंक जाय. ही तीच व्यक्ती आशिल्ली जिणें कथीत गुन्यांव जंय घडिल्लो त्या हॉटेलाच्या येवकार कक्षांतल्यान 100 नंबर डायल केल्लो. तिचे केशींत तपास अधिकाऱ्यांनी दाखयल्ली उदासीनताय आनी निश्क्रीयताय हाचे बाबतींत तक्रार करपा खातीर तिणें पुलिसांचे अधिकार श्रेणींतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्या कडेन संपर्क सादिल्लो. खास करून, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाणें विद्वान अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश हांचे मुखार केल्ल्या अटकपूर्व जामीन अर्जांत तिणें हस्तक्षेप अर्ज दाखल केल्लो आनी पारीत जाल्ल्या आदेशांत प्रतीत जाल्या प्रमाण  तिच्या वकिलाक सुनावणेची संद दिल्ली आनी ताचे उपरांत तो अर्ज भायर मारिल्लो. पूण, प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीन दाखल केल्ल्या अटकपूर्व जामीन अर्जांत जेन्ना अपीलकर्ता  / फिर्यादीन तशाच प्रकारचो हस्तक्षेप अर्ज[40] उच्च न्यायालया मुखार दाखल केलो तेन्ना जरी तिच्या वकिलाची उपस्थिती आदेशांत

केल्ली आशिल्ली  तरी तिणें केल्ल्या विनंती कडेन दुर्लक्ष केल्ल्याचें दिसून येता. असो दृश्टीकोण फिर्यादीच्या फौजदारी खटल्यांत वांटेकार जावपाच्या हक्काक मान्यताय दिवंक अपेशी थारता जातूंत आरोपीन दाखल केल्ल्या अटकपूर्व जामीन अर्जाक विरोध करपाचो हक्क आसपावीत आसा हें नमूद करूंक आमकां प्रवृत्त करता. जेन्ना अटकपूर्व जामिनाचो प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीच्या लाभांत दिल्लो पयलो आक्षेपीत आदेश दुसऱ्या आक्षेपीत आदेशा वरवीं कायम केलो तेन्ना अपीलकर्ता / फिर्यादीक अर्थपूर्ण सुनावणी न्हयकारिल्ल्यान आक्षेपीत आदेशांत हस्तक्षेप करूंक ह्या न्यायालयाक अतिरिक्त हक्क प्राधान्यान प्राप्त जाला.

**निश्कर्शः-**

26. वयर नमूद केल्ल्या कारणाक लागून प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाका अटकपूर्व जामीन मंजूर करपी तारीख 21 सप्टेंबर 2022 आनी 7 सप्टेंबर 2022 दिसाचो आक्षेपीत आदेश तिगपा योग्य ना आनी तो रद्दबातल थारायता आनी कुशीक दवरता. प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपीचीं जमानतपत्रां रद्द करतात.

27. पूण, ह्या न्यायालयान केशीचे गुणवत्तेचेर कांयच भाश्य करूंक ना हें आमी, त्वरीत नमूद करतात. हे केशींत दोशारोप हाचे आदींच दाखल केल्यात. जरी प्रतिवादी क्रमांक 2 / आरोपी हाणें योग्य ते रितीन त्या न्यायालया मुखार फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 439 प्रमाणें अर्ज दाखल केलो तर तो वयर नोंद केल्ल्या निरिक्षणाच्या प्रभावा खाला ये नासतना त्या अर्जाचे स्वतंत्र गुणवत्तेचेर आनी कायद्याचे तरतुदी प्रमाणें विचारांत घेतले.

28. वयल्या अटी प्रमाणें अपिलां निकालांत काडटात.

प्रबंधकांक दिल्ले निर्देशः-

29. हे केशींतल्या आरोपांची संवेदनशीलताय आनी तक्रार केल्ल्या गुन्यांवाचें स्वरूप लक्षांत घेतना अपीलकर्ता / फिर्यादीचे वळखीक संरक्षण दिवप क्रमप्राप्त आसा. हे केशींत तिका कुमारी एक्स अशें संबोधीत केल्या. प्रस्तूत केशींत अभिलेखांतल्यान अपीलकर्ता / फिर्यादीच्या नांवांत सुदारणां करूंक ताकतिकेन पावलां उखलचीं अशे प्रबंधकांक निर्देश दितात. हाचे फुडें, प्रस्तूत केशी सारकिल्ले संवेदनशील केशींत जरी फिर्यादीचें नांव याचिकेंत उगड जाल्यार योग्य त्या आदेशा खातीर न्यायालया मुखार केस सादर करचे आदींच नांवांत सुदारणां करूंक ते संबंदीत विद्वान वकिलां कडेन परत धाडल्या हाची खात्री करची.

x-x-x-x

[1] पयलो आक्षेपीत आदेश

[2] दुसरो आक्षेपीत आदेश

[3] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्रमांक 2594/2022

[4] 6 ऑगस्ट 2022 दिसा नोंद केल्लो सी. आर. एफ. आय. आर. क्रमांक 915/2022

[5] संक्षिप्त 'आय. पी. सी.'

[6] संक्षेपा खातीर 'ए. सी. एम. एम'

[7] जामीन अर्ज क्रमांक2279/बीए/2022

[8] संक्षेपा खातीर 'सी. आर. पी. सी.'

[9] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्रमांक1367/2022

[10] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्रमांक2594/2022

[11] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्र. 2594/2022 हातूंत हस्तक्षेप क्रमांक 17150/ 2022/22/ तारीख 6/10/2022

[12] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्र. 2594/2022 हातूंत हस्तक्षेप अर्ज क्रमांक 17150/2022/22

[13] अटकपूर्व जामीन अर्ज क्र. 2594/2022

[14] (2010) 14 एस.सी.सी. 496

[15] परि. 8- तपास अधिकाऱ्यान प्रतिज्ञापत्र दाखल केलें.

[16] 21/9/2-22 चो दुसरो वादग्रस्त आदेश.

[17] (2005 ) 8 21 ए.सी.सी.

[18] (2001) 8 280 ए.सी.सी.

[19] (2002) 8 598 ए.सी.सी.

[20] (2009) 8 286

[21] (2001) 4 224 ए.सी.सी.

[22] (2005 ) 3 143 ए.सी.सी.

[23] (2002 ) 9 ए.सी.सी. 364

[24] (2005 ) 7 ए.सी.सी. 326

[25] (2014) 16 ए.सी.सी. 508

[26] (2018) 12 ए.सी.सी. 129

[27] (2020) 2 ए.सी.सी. 118
[28] (2004) 7 ए.सी.सी. 528
[29] (2020) 5 ए.सी.सी. 1
[30] (20202)2 ए.सी.सी. 743
[31] (2019)17 ए.सी.सी. 326
[32] (2019) 17 ए.सी.सी. 326
[33] कलम 437(5)- जरी एकाद्रे व्यक्तीक एकाद्या न्यायालयान उपकलम (1) वा उपकलम (2) खाला जामिनाचेर सोडिल्ली आसत, आनी ताका जर तशें करप योग्य दिसलें, जाल्यार तें अशे व्यक्तीक परत अटक करून तिका बंदखणींत घालपाचे निर्देश दिवंक शकता.
[34] कलम 439 (2) उच्च न्यायालय वा सत्र न्यायालय ह्या प्रकरणा खाला मुक्त केल्ल्या एकाद्रे व्यक्तीक परतून अटक करून तिका बंदखणींत घालपाचे निर्देश दिवंक शकता.

[35] जामीन अर्ज क्रमांक 2279/बीए/2022 36 तारीख 10 ऑगस्ट 2022.

[36] तारीख10 ऑगस्ट 2022

[37] तारीख 06 ऑगस्ट 2022 आनी 6 सप्टेंबर 2022.

[38] आय.ए. क्रमांक 17150/2022

[39] (2022)9 ए.सी.सी. 321

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय*

आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**